Panaji Regional news

17.05.2025,, 7.20 pm

शंखनाद महोत्सव’

आदल्या काळांत दर्या पळोवपाक, तशेंच हेर गजाली पळोवपाक लोक गोंयांत येताले; गोंयांत सनातन संस्थेचें काम सुरू जाले उपरांत भारतीय संस्कृताय आनी देवळां पळोवपा खातीर नागरिक गोंयांत येतात. गोंय ही भोगांची भूंय न्हय, ती देवांची भूंय. सनातन संस्कृताय आनी शंखनाद महोत्सवाक लागून हांगाचे अर्थवेवस्थेक आनी संस्कृतीक पर्यटनाक चालना मेळटली.. सनातन संस्थेचें काम समाजा खातीर प्रेरणादायक आसा अशें गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी सांगले.सनातन संस्थेचे संस्थापक डॉ सच्चिदानंद परब्रह्म. जयंत बालाजी आठवले हांची ८३वी जयंती आनी संस्थेची रुप्या महोत्सव वर्स मनोवपा खातीर गोंयांत १७ ते १९ मे २०२५ मेरेन गोंय अभियांत्रिकी महाविद्यालय, फार्मागुडी, फोंडाच्या मैदानाचेर इतिहासीक ‘सनातन राष्ट्र शंखनाद महोत्सव’ आयोजीत केला. ताच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ते उलयताले.

ह्या संदर्भार मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी गोंय सरकारा वतीन सच्चिदानंद परब्रह्म डॉ.जयंत आठवले हांकां शाल, माळ आनी भेटवस्तू दिवन खासा भोवमान केलो, जाल्यार देशाचे राखणे खातीर केल्ल्या वावराक लागून मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या कडेन डॉ.जयंत आठवले मदत निधी  दिलो. ह्या उत्सवा खातीर सनातन संस्थेचे संस्थापक डॉ. जयंत आठवले आनी श्रीमती कुंदा जयंत आठवले, 23 देशांतले 19 हजारां परस चड भक्त हाजीर आशिल्ले. उत्सवाचे सुरवेक शंख कवच, गणेश वंदना वाजोवन, वैदिक मंत्रांचें वाचन करून मानेस्तांनी दिवो पेटयले. ह्या वेळार गोंयच्या कुंडई हांगाच्या दत्त पद्मनाभ पीठचे पद्मश्री सद्‌गुरू बहमेशानंद स्वामीजी आनी ‘सनातन मंडळ’चे संस्थापक मा. देवकीनंदन ठाकुर, केंद्रीय राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नायक, गोंयचे वीज मंत्री श्री. सुदिन ढवळीकार, गोंय राज्याचे समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, भाजपाचे गोंय राज्य अध्यक्ष श्री दामोदर नायक, कर्नाटकांतल्या म्हैसूर राजघराण्याचे युवराज आनी म्हैसूरचे खासदार श्री.

यदुवीर कृष्ण दत्त चमराज वाडियार, ‘सुदर्शन न्यूज’चे मुखेल संपादक श्री. सुरेश चवहांके, सनातन संस्थाचे प्रवक्ते श्री. चेतन राजहंस आनी श्री अभय वर्तक हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी आपल्या उलोवपात, सनातन राष्ट्राचो मुहूर्तमेढ गोंयांतल्यान जाता, हो इतिहासीक खीण जावन आसा अशें म्हळे. "सनातन राष्ट्र निर्माण करपाच्या वावरांत गोंयचे धर्मप्रेमी सनातन संस्थे वांगडा आसात." अशे म्हळे.

**मंत्री विश्वजीत**

मडगाव: केंद्र सरकारान देशातल्या जायत्या राज्यांनी एम्स हॉस्पिटलां बांदल्यांत. गोंयांतय सुसज्ज अशे एम्स हॉस्पिटल सुरु करचे अशी मागणी गाेंय सरकार केंद्राकडेन करतले. ही म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आयज मडगांवां दिली. हे खातीर आपूण रोखडोच केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हांची नवी दिल्लीत वचून भेट घेवन ही मागणी करतलों अशें तांणी सांगलें.मडगांवां घडोवन हाडिल्ल्या एका भलायकी तपासणी शिबिराचे आयज सकाळी मंत्री राणे हांणी उक्तावण केले. ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर हे हाजीर आसले. कॅन्सर ह्या रोगाचेर प्रोटोन ही उपचार पद्धती प्रभावी थारता. त्याखातीर गाेंयांतल्या सुपर स्पेशालिटी हॉस्पिटलांनी ही उपचार पद्धती सुरु करपाचो यत्न गोंय सरकाराचो आसतलो अशें तांणी सांगलें.गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलात यकृताच्या दुयेंसाचेर उपचार सुरु करतले. तशेंच गोंयांत वैजकी पर्यटन चालीक लागचे ह्याखातीर हॉस्पिटलांनी वैद्यकी साधन सुविधा वाडयतले अशी म्हायती तांणी दिली.

**अमीत पाटकार**

म्हादयचे उदक कर्नाटकाकडे वळोवपाक गोंय प्रदेश काॅग्रेस समीती कशीच दीवची ना,हे वीशी गोंय प्रदेश काॅग्रेस पक्ष खर विरोध करतली  अशे विधान आयज काॅग्रेसाप्रदेश अध्यक्ष अमीत पाटकार हांणी केला. पणजे काॅग्रेस हावसात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.

म्हादयचे उदक वळयत जाल्यार ताचो गोंयच्या सैमाचेर कसो वायट परीणाम जातलो ते वीशी कांय वैज्ञानीक संस्थानी ,तशेच IIT mumbai हांणी लेगीत अहवाल दीला.ह्या अहवालाची प्रत , data आनी research paper का◌ॅग्रेस पक्ष म्हादय बचाव अभियानाची निमंत्रक निर्मला सावंत हांका दीतले अशीय म्हायती तांणी ह्यावेळार दील्या.ह्या पत्रकार परीशदेदरम्यान म्हादयचे उदक कर्नाटकाकडेन वळयत जाल्यार ताचो गोय राज्याच्या पर्यावरणाचेर कसो परीणाम जातलो तांची म्हायती presentation माध्यमातल्यान ह्यावेळार खबराकारांमुखार सादर केले.ह्यावेळार दक्षीण गोंयचे खासदार कॅप्टन वारीयेतो फर्नांडीस तशेंच का◌ॅग्रेसीचे हेर वांगडी हाजीर आशील्ले.

पैंगीण-काणका◌ेण

मडगाव: तीन वर्सांतल्यान एकदा येवपी पैंगीण-काणका◌ेण हांगाच्या श्री बेताळ देवस्थानाची गड्यांची जात्रा आयज मोठ्या भक्तीभावान आनी विधीसयत मनयली. हे जात्रेक चार गड्यांक २५ फूट लांबायेर बांदिल्ल्या राटाक बांदून घुंवडावपाची प्रथा आसता. आयज दनपरां ही प्रथा जाल्या उपरांत हे जात्रेची सांगता जाली.

पैंगीण-काणका◌ेण हांगाच्या श्री परशुराम पंचग्राम देवतांपैकी बेताळ ही देवता आसून काणका◌ेणच्या लोलये, पैंगीण आनी खरगाळ ह्या तीन गांवांचे बेताळ हे दैवत जावन आसा. तीन वर्सांनी एकदां जावपी हे जात्रेक राटाचेर भोंवडावपी गड्यांची प्रथा पळोवपाक हजारोंनी लोक काणकोणां जमतात. अ◌ायजय ह्या उत्सवाक भाविकांची व्हड गर्दी आशिल्लीं.

म्हादयचे उदक

85

म्हादयचे उदक कर्नाटकावटेन वळयले जाल्यार गोंय राज्याक तातुंल्यान व्हडलोसो धपको बसचो ना अशी सुचोवणी राश्टीय समुद्र विज्ञान संस्थेन म्हादयवीशी तयार केल्ल्या

अहवालात म्हळा.मात ह्या अहवालाचो गोंय सरकाराकडे तशेंच सर्वोच्च न्यायालयात सध्या सुरू आशील्ला केशीकडे कायच संबंध ना अशे विधान आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.गोय सरकारान वा म्हादय लवादान राश्टीय समुद्र विज्ञान संस्थेक हो अहवाल करपाक सांगुक नाशील्लो.हो अहवाल NIO स्वःत तयार केला .ताका लागुन ह्या अहवालाचो सरकाराकडे वा सध्या कर्नाटकाआड गोंय सरकाराची सर्वोच्च न्यायालयात आशील्ल्या केशीचेर कांयच परीणाम जावचो ना अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

## उपासमारी

संयुक्त राष्ट्रांच्या अन्न आनी शेतकी संघटनेन (एफएओ) 2024 वर्सा संवसारीक उपासमारी संकश्ट वाडत आशिल्ल्याचें सांगलां, 53 देशांनी 29.5 कोटी लोकांक खर अन्न असुरक्षीततायेचो त्रास जाला, जो 2023 वर्साच्या तुळेंत 1.37 दशलक्ष वाडला. जायत्या वाठारांनी संघर्श मुखेल चालक उरले, सुदानांत दुकळ आनी गाझा, दक्षिण सुदान, हैती आनी माली हांगा उपासमारीची विनाशकारी पातळी दिसून आयली. तशेंच मे ते सप्टेंबर 2025 ह्या काळांत गाझा हांगा दुकळ येवपाची शिटकावणी ह्या अहवालांत दिल्या.सक्तीन स्थलांतर, अर्थीक धक्को आनी अत्यंत हवामान हाका लागून संकश्ट आनीक वाडलें. एफ ए ओचे महासंचालक क्यू डोंग्यू हांणी खर अन्न असुरक्षा दीर्घकाळाची वास्तवताय जावपाक लागल्या, खास करून गांवगिऱ्या वाठारांनी भर दिलो.

## बहुपक्षीय प्रतिनिधी मंडळ

ऑपरेशन सिंदूर उपरांत पाकिस्तान प्रायोजीत आतंकवादाचेर भारताची भुमिका मांडपा खातीर सरकार वेगवेगळ्या देशांनी सात बहुपक्षीय प्रतिनिधी मंडळ धाडटा. ह्या म्हयन्याच्या निमाणें संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळाच्या वांगडी देशां सयत मुखेल भागीदार देशांक भेट दिवपाचे आसात. तातूंत वेगवेगळ्या राजकी पक्षांतले खासदार, नामनेचे राजकी व्यक्ती, आनी नामनेचे राजनयिक आसतले.

मजगतीं, प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना भाजपा खासदार रविशंकर प्रसाद हांणी सांगलें, हो उपक्रम प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या पयसुल्ल्या विचारांचें प्रतिबिंबीत करता. भारताच्या सामुहीक संकल्पाक लागून आतंकवादाच्या आड एकवटीत उबे रावपाचें म्हत्व संवसाराक दिसतलें अशें तांणी सांगलें.

## हवामान

हवामान खात्यान आयजसावन फुडले 4 दीस राज्यांत वादळी वार्यासयत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जालीं केला.21 तें 22 मे मेरेन हलको पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.कार रातीं सत्तरी सयत हेर कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडलो.हवामान खात्यांत दिल्ल्या म्हायती प्रमाण आयज पणजेंत चडांत चड तापमान 35.08 अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 26.09 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.जाल्यार मुरगांवात चडांत चड तापमान 34.08 अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान 26.04 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 34 अशं ते उण्यांत उणे।26 अंश सेल्सियस इतलें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.२2 मे दिसा राज्यांत हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा.